# पारंपरीक वखदां प्रणालींचे आधुनिक भलायकी सेवा पद्दती कडेन वैज्ञानिक एकत्रीकरण करपाची गरज- मुख्यमंत्री

ता. 18 फेब्रुवारी 2026

पारंपरीक वखदां प्रणालींचे आधुनिक भलायकी सेवा कडेन सरंचीत, वैज्ञानिक एकत्रीकरण करपाची गरज आशिल्ल्याचें मत गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केले.

युएई हांगा आयोजीत तिसऱ्या आंतरराष्ट्रीय आयुष परिशद आनी प्रदर्शनाच्या समारोप कार्यक्रमात मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना डॉ. सावंत हांणी प्रतिबंधात्मक भलायकी सेवा पायाभूत करून जागतिक भलायकी प्रणालींक उपचार मॉडेल्सा पसून कल्याण-केंद्रीत दिश्टीकोना कडेन वळोवपाक जाय, अशेंसांगलें.

डॉ. सावंत हांणी सांगलें, दुबय हे नावीन्यपूर्ण, वाणिज्य आनी सांस्कृतिक दिवप-घेवप करपाचे जागतिक केंद्र आसा. आंतरराष्ट्रीय आयुष परिशद आनी प्रदर्शना खातीर योग्य व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवपा वांगडाच भलायकी सेवेच्या फुडाराक नवी दीका दिवपाक पारंपरीक वखदां प्रणालींची म्हत्त्वाची भूमिका आसा हाची गवाय दिता. वैज्ञानिक विशयांचेर चर्चा, संशोधन, सादरीकरणांची गुणवत्ता, धोरणात्मक चर्चा आनी जागतीक सहकार्य हे आयुष प्रणालीं वयल्या वाडट्या आंतरराष्ट्रीय विश्वासाचे प्रतिबिंब आसा , अशें तांणी नमूद केले.

मुख्यमंत्र्यान सांगलें, जागतिक भलायकी सेवेचो फुडार सहकार्य आनी एकवटाच्या प्रयत्नांत आसा, जंय पारंपरीक ज्ञान आनी आधुनिक वैजकीय विज्ञान सुरक्षितता, परवडपी आनी शाश्वत भलायकी सेवा उपाय प्रदान करपाक एकमेकांक पूरक आसात. सामायिक ज्ञान, संशोधन, सुसंवाद आनी संस्थात्मक भागीदारी ही मजबूत भलायकी प्रणाली उबारपाक म्हत्त्वाची आसा, अशें तांणी सांगलें.
आयुष वैजकी पद्दती कडेन आता न्हय फकत एक वारसो म्हूण जाल्यार आधुनिक भलायकी सेवा प्रणालींचो एक व्यवहार्य आनी पुराव्याचेर आधारित घटक म्हूण पळोवपात येता.

मुख्यमंत्र्यान सांगलें, भारताचे मानादीक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदर्शी फुडारपणाखाला आयुष उपचार पद्दतीक जागतिक मान्यताय फावो जाल्ली आसा. योगाचे आंतरराष्ट्रीयकरण ते आयुर्वेद आनी हेर पारंपारीक प्रणालींच्या संस्थात्मक बळकटीकरणा सयत भारतान एकात्मिक भलायकी सेवेक जागतिक भलायकी मळार म्हत्वाचे स्थान मेळोवन दिल्ले आसा.
समग्र भलायकी आनी निरोगी जीण ह्या खातीर गोंय राज्य दर्जेदार वखदां , भलायकी सेवा, भलायकी पर्यटन आनी शाश्वत भलायकी उपचार पद्धतींक प्रोत्साहन दिता, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्र्यांचे कार्यक्रम थळार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर हांणी तांका पारंपारीक कुणबी शाल भेटोवन येवकार दिलो. पयली डॉ. सावंत हांणी प्रदर्शनातल्या गोंयच्या स्टॉलाक भेट दिवन प्रदर्शनाची पळोवणी केली.

म्हायती अधिकारी श्री ऑलविन एक्स. परेरा, आयुष उपसंचालक, भलायकी विभाग डॉ. मीनल जोशी आनी आझिलो हॉस्पिटलचे आयुर्वेदिक चिकित्सक डॉ. समीर सडेकर, आयुर्वेदिक वखदा विभागाच्यो प्रमुख डॉ. दिपाली शिरवयकर आनी डॉ. शांभवी गाडगीळ हांचो ह्या वेळार उपस्थितांमदी आस्पाव आशिल्लो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/130

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.